Reg news 7.20 pm 15th feb 2026

देव, देश  आनी धर्म   महत्वाचे आसा, आनी तांचेविंशी आम्ही जवाबदारीन वागपाक जाय.  गोंय हे धर्मिक तशेचं  गिरेस्त  संस्कृताय आशिल्ले राज्य  अशे मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयच्या धर्मिक पर्यटनात  गोवेश्वर  मंदिर  हे निश्चितुच  महत्वाचे धर्मिक थंळ थारतले असो विसवास मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

जाल्यार  गोंयच्य  मातयेत इश्वरी चैतन्य आशिल्लो अंश आसा.परशुरामान निर्मिती केल्या ह्या  गोंमन्त भुमीक  आगळे वेगळे धर्मिक  महत्व आसा अशे पुज्यपाद रामानंदाचार्य नरेंद्रचार्यज हांणी म्हणला. मुगल तशेच  पोर्तुगाजींनी गोंयची धर्मिक तशेच  सांस्कृतिक  वारसो विध्वंस केलो. मात गोंयकारांनी तो परत तोगिवोन दवरला अशे म्हाराजन म्हणला.  गोवेशेवर महाशिव मंदिराचो आयज प्राणप्रतिश्ठा आनी कलशरोहण सुवाळो मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत  हांच्या हस्तुकी जालो. ह्यावेलार  तांची घरकान्न  सुलक्षणा सावंत हाजीर आशिल्ली.  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी गोवेश्वर  महाशिव आनी द्वादश ज्योत्तीलिंगाची प्राण प्रतिश्ठा जाली.  जाल्यार  दनपरच्या  सत्रात  पुज्यपाद रामानंदाचार्य नरेंद्रचार्यज हांणी बरयिल्ली 1500 पानाचो  गोवेश्वर  महिमा  संहिता  ह्या ग्रथांचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी विमोचन जाले. कार्यावळीच्या दुसऱ्य सत्रात  गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक  गजपथी राजु हांणी मंदिरात भेट दिवंन देव दर्शन घेतले.  ह्यावेळार  मार्चेर  कणिटकार  दास म्हाराजा, ब्रम्हेशानंद  म्हाराज तशेच  हेर साधु, संत  हाजीर आशिल्ले. ह्या  कार्यावळीक  गोंय , म्हाराश्ट्र, कर्नाटक, गुजरात , तशेचं  सांप्रदायाच्या  देशभरातल्या हेर भाविकांनी व्हडा आकड्यान हाजेरी लायिल्ली.

केंद्रीय उदद्गेगीक सुरक्षा दळाची वंदे मातरम कोस्टल सायक्लोथॉन 2026 आयज सांजवेळा गोंयच्या चिकालीत पावतली. सायकल पंगड, मोर्मुगांव बंदर प्राधिकरणांत थांबचे पयलीं 182 किलोमीटर लांबायेचो मार्ग पुराय करतलो. ह्या वेळार मुख्यमंत्री, पुलीस महासंचालक आनी गोंयांतले हेर सीआयएसएफचे अधिकारी हाजीर आसतले आसा.

आयज कार्निवल उस्तवाचो दुसरो दीस आसून त्या निमतान आयज मडगाव शारांत चित्ररथ मिरवणूक चालू आसा. पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हाणी होली स्पिरिट चर्च चौकात ह्या मिरवणुकेक बावटो दाखोवन सुरवात केली. ह्यावेळार भौषिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत , नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकर, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर आणि हेर मानेस्त हाजीर आसले.होली स्पिरिट चर्च चौकात सावन सुरू जाल्ली ही मिरवणूक नगरपालिका चौकात सोपतली . सध्या ही मिरवणूक चालू आसा आणि ती पळोवंक रस्त्याच्या दोनूय वाटानी लोकांनी गर्दी केल्या.कार्निवला निमतान साष्टी तालुक्यातल्या वेगवेगळ्या गावांनी पारंपरिक खेळ आणि हेर कार्यावळी चालू आसात . काल फातोर्ड्या हांगा वी फॉर फातोर्डा हे संस्थेन कार्निवल ब्लास्ट ही कार्यावळ घडवन हाडतना मिनी चित्ररथ मिरवणूक घडवन हाडली . हे मिरवणुकेत आमदार विजय सरदेसाय हेय वाटेकार जाल्ले .

संवसारभरांतल्या आयुर्वेदाच्या मळार आनी आयुश खाला हेर पारंपारीक पद्दतींच्या मळार भागधारकांक एकठांय हाडपी प्रतिश्ठीत जागतीक मंच आशिल्ल्या आंतरराष्ट्रीय आयुष परिशद आनी प्रदर्शनाच्या तिसऱ्या आवृत्तींत गोंय राज्यान अभिमानान वांटो घेतलो. आयज उक्तावण जाल्ली आनी 17 फेब्रुवारी 2026 मेरेन उक्ती आशिल्ली ही कार्यावळ विज्ञान भारती(सायन्स इंडिया फोरम-यूएई) हांणी युएईच्या वर्ल्ड ट्रेड सेंटरांत आयोजीत केल्ली. आयुष मंत्रालय, भारत सरकार भारत दूतावास, युएई आनी भारतीय वाणिज्य दूतावासाच्या आश्रया खाला प्रदर्शन घडोवन हाडपाक संबंदीत आसा, दुबय आयज संवाद, सहकार, गिन्यानाचो आदान-प्रदान, आनी समग्र भलायकी जतनाय पद्दतींचो प्रसार करपा खातीर एक जिवंत मंच

म्हणून काम केलें.परिशदेचो मुखेल विशय म्हळ्यार मन-शरीर भलायकेंत पुराव्याचेर आदारिल्ले आयुश हस्तक्षेप.आयुर्वेद प्रदर्शनांत गोंयचो वांटो हो राज्यान निरोगीपण पर्यटनाचे दिकेन केल्ल्या खर धक्या कडेन जुळपी रणनिती उपक्रमाचो एक भाग जालो. निरोगीपण प्रवासाक संवसारीक गती मेळपाक लागल्या, आयुर्वेद ही शारिरीक, मानसीक आनी भावनीक बऱ्यापणा वाडोवपी वेळान चांचणी केल्ली आनी समग्र पद्दत म्हणून उबी रावता.माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान हातांत घेतिल्लो आनी ताच्या ईएमए मेसर्स शॉन एडइव्हेंट वरवीं कार्यान्वीत केल्लो गोवा स्टॉल पर्यावरणीय साहित्या वांगडा आपली खाशेली संकल्पना आनी डिझायनान ह्या कार्यावळींतल्या स्टॉलां मदीं वेगळो जालो.

आयज कार्निवल उस्तवाचो दुसरो दीस आसून त्या निमतान आयज मडगाव शारांत चित्ररथ मिरवणूक चालू आसा. पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हाणी होली स्पिरिट चर्च चौकात ह्या मिरवणुकेक बावटो दाखोवन सुरवात केली. ह्यावेळार भौषिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत , नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकर, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर आणि हेर मानेस्त हाजीर आसले.

होली स्पिरिट चर्च चौकात सावन सुरू जाल्ली ही मिरवणूक नगरपालिका चौकात सोपतली . सध्या ही मिरवणूक चालू आसा आणि ती पळोवंक रस्त्याच्या दोनूय वाटानी लोकांनी गर्दी केल्या.कार्निवला निमतान साष्टी तालुक्यातल्या वेगवेगळ्या गावांनी पारंपरिक खेळ आणि हेर कार्यावळी चालू आसात . काल फातोर्ड्या हांगा वी फॉर फातोर्डा हे संस्थेन कार्निवल ब्लास्ट ही कार्यावळ घडवन हाडतना मिनी चित्ररथ मिरवणूक घडवन हाडली . हे मिरवणुकेत आमदार विजय सरदेसाय हेय वाटेकार जाल्ले .

दिवचल म्हालांत महाशिवरात्र उत्सव वेगवेगळ्या भागांनी तरेकवार कार्यवळीनी वडा उमेदीन आनी भक्तीभावान मनोवपात आयलो. महाशिवरात्रीच्या निमित्तान गोंयचे एक प्रसिद्‌ध तीर्थक्षेत्र हरवळे हांगसर श्री रुद्रेश्वर देवस्थानात महाशिवरात्रीच्या निमित्तान आयज फांतोडेडे चार वरांसावन दिसभर विंगड विंगड धार्मिक आणि सांस्कृतिक कारवाळींचे आयोजन जालें. भाविकांनी श्री रुद्रेश्वर देवस्थान मंदिरात वचून श्री रुद्रेश्वराचेर स्वतःच्या हातानी अभिषेक केलो तशेच तीर्थार वचून पवित्र स्नान केले. महाशिवरात्रीच्या निमित्तान गोंयचे मुख्यमंत्री तशेच साखळेचे आमदार डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं हरवळे रुद्रेश्वर देवस्थानात वचून श्री रुद्रेश्वर देवाचे दर्शन घेतले. महाशिवरात्रीच्या निमित्तान हरवळेप्रमाणेच नार्वे हांगसर श्री सप्तकोटेश्वर मंदिर, दिवचल, मुळगाव, मये, चोडण कारापूर ,साखळी, वीर्डी, अमोणे, नावेली तशेच हेर भागांनी आशिल्या महादेवाच्या देवळानी महाशिवरात्रीच्या निमित्तान आयज दिसभर धार्मिक सांस्कृतिक आनी मनरीजवणेच्यो कार्यवळी आयोजित केल्यात.

फोंडा तालुक्याच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी महाशिवरात्रि उत्सव व्हड उमेदीन मनयलो, अभिषेक महापूजा, महाआरती आनी धार्मिक विधींनी उत्सव संपन्न जालो. बोरीच्या नामनेच्या सिध्दनाथ पर्वताचेर सकाळीं फातोडेचेर शिवपिंडीक अभिषेक ,धर्मीक विधी पुराय जाले. रामनाथीच्या श्री रामनाथ देवळांत महाशिवरात्रि निमतान जत्रोत्सव सुरू जाला आनी हे निमतान वेगवेगळे धर्मीक विधी आनी सांस्कृतीक कार्यावळी आयोजीत केल्यात. तशेंच शिरोडेच्या कामाक्षी देवळात जात्रेक सुरूवात जल्या. धवळी फोंडातलें कमलेश्वर देवूळ, शिरोडाच्या शिवनाथ देवळात ,बोरीचें संजेश्वर देवूळ, नागेश महारुद्र देवूळ आनी फोंडाचें कपिलेश्वर देवूळ, गोविंद नाथ मंदिर, बेतोडाचें महादेव देवूळ, तांबडी सुरलाचें महादेव देवूळ आनी हेर ईश्वराच्या देवळांनी भक्तांनी गर्दी करून अभिषेक आनी पूजा आदी केलें. दनपारां वेगवेगळ्या तीर्थांनी महा आरती आनी
महाप्रसाद जाले.सांजवेळाच्या सत्रांत पालखी भजन कार्यावळी आनी सांस्कृतीक कार्यावळी जातल्यो.

पुराय गोया वांगडा दक्षिण गोयांतय आज महाशिवरात्रेचो उत्सव मोठ्या भक्तीभावान आणि उमेदीन मनयलो.

मडगाव हांगा दामोदर लिंग मंदिरात सकाळ सावन भाविकांनी लिंगाचेर अभिषेक घालपाक गर्दी केल्ली.
पारोडा केपे हांगाच्या श्री चंद्रेश्वर मंदिर, जांबावली हांगाच्या श्री रामनाथ दामोदर मंदिर, रिवण हांगाच्या श्री विमलेश्वर मंदिर, सांगे हांगाच्या संगमेश्वर मंदिर तसेच काणकोण हांगाच्या मल्लिकार्जुन मंदिरात शिवरात्रेचे मुखेल सुवाळे जाले.

माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान 19 तारखेक फर्मागुडी -फोंडा हांगा छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या जयंती निमतान हायस्कूल आनी उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यां खातीर छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या जिविताचेर आनी कार्याचेर अखिल गोंय नाटक प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालय क्विझ सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त सकाळीं 9 सावन फार्मागुढी हांगाच्या श्री गणपती देवस्थानाच्या आवारांत जातली.नाटक सादरीकरणा खातीर चडांत चड पांच मिनटां दितले. सर्तींतल्या जैतिवंतांक रोख पुरस्कार दितले. पयलो 10 हजार रुपया, दुसरो 7 हजार आनी तिसरो 5 हजार रुपया रोख अशीं ही इनामां आसात. सर्तींत वांटो घेवपाची इत्सा आशिल्ल्यां विद्यालयांनी आनी महाविद्यालयांनी 17 तारखे आदीं कार्यालयीन वेळार म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याक नोंदणी करची. चड म्हायती खातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे श्याम गांवकार हांचेकडेन संपर्क सादचो अशें ह्या खात्यान कळीत केलां.